<u>आकाशवाणी पणजीच्या</u>

<u>प्रादेशिक खबरा</u>

<u>National News</u>

8 October 2026 6.30 p.m.

## PM- IMC

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या यशोभूमिंत इंडिया मोबायल काँग्रेसीचे धावे आवृत्तीचें उक्तावण केलें. काल सुरू जाल्ल्या चार दिसांच्या कार्यावळींत दूरसंचार, डिजिटल जोडणी आनी तंत्रीक नवनिर्माणांत भारताची उल्लेखनीय उदरगत दाखोवन दिल्या. Scale Without Boundaries हो IMC 2026 विशय, जो डिजिटल नवनिर्माण, फुडले पिळगेची जोडणी आनी तंत्रज्ञानाच्या फुडारपणा खाला वाडपाच्या मळार भारताची वाडत वचपी क्षमता दाखयता. भारतीय मोबायल काँग्रेस प्लॅटफॉर्माचेर भारतांतल्या दूरसंचार क्षेत्राची आनी डिजिटल जोडणीची उदरगत जाल्या अशे ह्या वेळार उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. देशांतल्या दरेका जिल्ह्यांत 5जी जोडणी पावल्या अशें प्रधानमंत्री हांणी मुखार सांगले. (Byte)

## GST Council meeting

माल आनी सेवा कर परिषदेची 57वी बसका नवी दिल्लीच्या भारत मंडपम केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांचे अध्यक्षतेखाला जाली. बसकेंत जीएसटी वाद सोडोवपा खातीर आनी इनपुट कर उदारी प्रवाह सुदारपा खातीर धोरण सुदारणां विशीं विचार सुरू आसा, ताचो हेतू अनुपालनाचो वेळ आनी खर्च उणो करपाचो आसा.

GST वेवस्थेंतल्या फुडल्या सुदारणांचो संच सरकार पांच मुखी येवजनेंत मांडटलो अशें अर्थ मंत्रालयांतल्या सूत्रांनी सांगलें. जीएसटी पद्धतींत सद्या आशिल्ल्यो जायत्यो प्रशासकीय आडमेळीं स्वयंचलीत आनी उणी करप आनी खास करून ल्हान वेवसायां खातीर अनुपालन भार उणो करप हो ह्या सुदारणेचो हेतू आसा.

## Nana Patekar

ज्येष्ठ अभिनेते नाना पाटेकर हे आयज गोंयात ७५ वर्सां पिरायेचेर संसाराक अंतरले. काळजाचो आताक येवन तांकां मरण कळून आयले नाना पाटेकर ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ल्या विश्वनाथ पाटेकराचो जल्म 1 जानेवारी 1951 दिसा महाराष्ट्रांतल्या मुरुद-जंजीरा हांगा जालो.

खर अभिनय, खाशेले संवाद वितरण आनी गुंतागुंतीच्या पात्रांचें चित्रण हांचे खातीर ताची नामना आशिल्ली. तीन राष्ट्रीय चित्रपट पुरस्कार मेळयल्ले नाना पाटेकर हांची परिंदा, क्रांतीवर, अग्नि साक्षी, नत्समराट, अब तक छप्पन, येशवंत ह्या चित्रपटांक लागून ताची तोखणाय जाल्ली. हिंदी आनी मराठी सिनेमांत नाना पाटेकराचें योगदान अफाट आशिल्लें. ताच्या निधनाक लागून खोल रिकामेपण आयला. ताच्या कुटुंबाक, इश्टांक आनी अगणित प्रशंसकांक बुजवण. अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी twitteravarvi म्हळा

## SC- Pharmaceutical

वखदां कंपनींच्या विपणन पद्धतीं सयत दोतोरांक दिवपी भेटवस्तू आनी हेर फायद्यां सयत कायदेशीर नियमन करपाची गरज आसा काय ना हाची तपासणी करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयान आयज केंद्राक तीन वांगड्यांची समिती तयार करपाचो निर्देश दिला. वखदां कंपनीं आनी दोतोरां मदल्या अनैतिक संवादाचेर कारवाय करपाची याचिका आयकतना न्यायाधीश विक्रम नाथ आनी संदीप मेहता हांच्या खंडपिठान हो निर्देश जारी केला.

## AYUSH

आयुष सेवा क्षेत्र बायलां खातीर रोजगाराचो म्हत्वाचो स्रोत म्हूण उदेता, हॉस्पिटलां, शिक्षणीक संस्था आनी निरोगीपण आस्थापनां सयत जायत्या संघटीत विभागांनी तांचें प्रतिनिधित्व 50 टक्क्यां परस चड आसा. एकंदर आयुष सेवा कामगारांत बायलांचो वांटो 43 टक्के आसा अशें आयुष मंत्रालयान सांगलां.

## IMD

भारतीय हवामान खात्यान केरळम, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उत्तराखंड, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.

ईतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखवले राष्ट्रीय खबरपात्र तुमका आयकुपाक मेळटले फाल्या सकाळी 8 वरा जावन 40 मिनटांचेर.